10/10/2026 Panaji 1830 hrs

National News

आधुनिक युद्धपद्धती आनी संवसारीक सुरक्षा वेवस्थेंतल्या व्हड बदलांच्या फांटभुयेर, भारत आपल्या शेजारच्या आनी त्यापलतडच्या क्षेत्रांतल्या घडामोडींचेर तशेंच तांचे धोरणात्मक परिणाम हांचेरप बारीकसाणीन लक्ष दवरून आसा अशें मत संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी उक्तायलें.

जोधपूर वायू दळाच्या तळाचेर आयोजित केल्ल्या 'सराव तरंग शक्ती २०२६' हे कार्यावळींत ते उलयाताले. 'आत्मनिर्भर भारताच्या संकल्पनेंतल्यान प्रेरणा घेवन भारतीय सशस्त्र दळाची रचणुक, क्षमता आनी धोरणात्मक दृष्टिकोन हातूंत मूलभूत परिवर्तन जालां अशें तांणी सांगलें.

प्रस्थापित संवसारीक वेवस्था नेटान बदलता. जाल्यार उदयाक येवपी संवसारीक वेवस्थेचे स्वरूप आजून लेगीत निश्चित नां अशें वायू सेनेच्या तळाचेर हवाई प्रात्यक्षिकां पळयले उपरांत संरक्षण मंत्र्यांनी सांगलें. 'आत्मनिर्भर भारत' म्हणजे भारताक जगापासूनवेगळे करप न्हय अशेंय संरक्षण मंत्री सिंग हांणीं नमूद केलें.

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी मुखार सांगलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीं किशोरवयीन चलयांची भलायकी , पोशण आनी सर्वांगीण उदरगत हांचेर अदीक लक्ष केंद्रित करपाचें आवाहन केलां . नवी दिल्लींत काल महिला आनी बाल विकास विषयाचेर दोन दिसांच्या राष्ट्रीय विभागीय परिषदेच्या समारोप सत्राच्या अध्यक्षपदा वेल्यान ते उलयताले.

प्रधानमंत्री मोदीं हांणीं जनभागिदारीच्या महत्त्वाचेर भर दिलो आनी अंगणवाडी केंद्रांची उदरगत 'सामूहिक सहभागाची केंद्रां' म्हणून करपाचें आवाहन केलें. अंगणवाडी केंद्रांच्या लागसार रावपी कुटुंबांक विशेष प्रसंगाचेर भुरग्यां खातीर पौष्टिक अन्न, खेळणी आनी थळाव्या पातळेचेर उपेगी अशो हेर वस्तू देवन योगदान दिवपा खातीर प्रोत्साहित करपाक जाय अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

बायलांचे सुरक्षे संबंदीत प्रस्नांचेर चर्चा करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी बायलां खातीर पिराये प्रमाण मॉड्यूल तयार करपाचो सल्लो दिलो. बायलांची सुरक्षीतताय, स्वाभिमान आनी सशक्तीकरण, तशेंच वेगवेगळया खात्यांतल्यान समन्वयात्मक यत्नांतल्यान प्रतिबंधात्मक उपायांचें म्हत्व तांणी सांगलें.

विरोधी पक्ष घटनात्मक संस्था दुबळी करता आनी लोकशायेवेलो लोकांचो विश्वास डळमळीत करता असो आरोप केंद्रीय शेतकी मंत्री शिवराज सिंह चौहान हांणी आयज भोपाळांत पत्रकार परिशदेंत संबोधीत करतनां केला. हें सगळें परकीय शक्तींच्या फाटबळान करता असो दावो केंद्रीय मंत्र्यांनी केला.

जम्मू-काश्मीरा बाबतींत फटीच्यो गजाली पसरय़ील्ले खातीर भारतान, संयुक्त राष्ट्रांत पाकिस्तानाचेर कडक शब्दांत टीका केल्या. आनी हो केंद्रशासित प्रदेश भारताचो अविभाज्य आनी अतूट भाग आसा आनी सदांच उरतलो हाचेर ठाम भूमिका मांडली. न्यूयॉर्कांत आयज संयुक्त राष्ट्र संघटनेच्या सार्वत्रिक सभेच्या चवथ्या समितींत विवसाहतीकरणाचेर जाल्ले चर्चेंत भारतान आपलो जापेचो हक्क वापरलो.

खासदार महिमा कुमारी मेवार हांणी पाकिस्तानाच्या प्रतिनिधीन केल्ल्या विधानाक प्रतिउत्तर दिलें.

भारतीय हवामान खात्यान बिहार, कर्नाटक, हिमाचल प्रदेश, आनी जम्मू-काश्मीरांत आयज उटंगरांचो पावस पडटलो असो अदमास उक्तायला.

फुडल्या 2 ते 3 दिसांत उदेंत भारत आनी उत्तर द्वीप-कल्पांतल्या आनीक कांय वाठारांनी, आनी ईशान्य भारताच्या जायत्या वाठारांनी नैऋत्य मान्सून पावस परतीचे वाटेक वचपा खातीर पोशक वातावरण आशिल्ल्याचें हवामान विभागान म्हळां.

दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, आंध्र प्रदेश, केरळम आनी माहे हांगासर फाल्यां मेरेन गडगड आनी जोगलां सयत पावस पडपाचो अंदाद वेधशाळेन उक्तायला.

ऑस्ट्रेलियेच्या बरहॅम शारांत जाल्ल्या वर्ल्ड बावल्स चॅम्पियनशिपांत भारताचो पयलो पदक मेळोवन भारताचो पुतुल सोनोवाल हाणें इतिहास निर्माण केला. आसामांतल्या 43 वर्सां पिरायेच्या पुतुलान दादल्यांच्या एकेरी सर्तींत उपांत्य फेरयेंत पावून हें पराक्रम साध्य केलें. सिंगापूरच्या हॅरिमन युएनाक क्वार्टर फायनलींत हारोवन पुतुलान निमाण्या चारांत सुवात मेळयली.

आसाम पुलिसांचो वांगडी पुतुल हो भारतांतलो एक मुखेल लॉन बावल खेळगडो. २०२६ वर्साच्या आशियाई लॉन बावल्स चॅम्पियनशिपांत दादल्यांच्या एकेरी सर्तींत भांगरा पदक जिखून ताणें आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार आपली सुवात आनीक घटमूट केली.